# Aakashvani Panaji National Bulletin 6.30 pm 23rd December 2025

## PRES

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी आयज नवी दिल्लीच्या राष्ट्रपती भवनांत जाल्ल्या कार्यावळींत राष्ट्रीय विज्ञान पुरस्कार 2025 भेटयली. विज्ञान, तंत्रगिन्यान आनी नवनिर्माण ह्या मळार अपवादात्मक योगदान दिल्ल्या खातीर ही राष्ट्राची सगळ्यांत व्हडली मान्यताय. राष्ट्रीय विज्ञान पुरस्काराच्या दुसऱ्या आवृत्तींत विज्ञान रत्न, विज्ञान श्री, विज्ञान युवा-शांती स्वरूप भटनगर आनी विज्ञान पंगड अशा चार वर्गांतल्यान पुरस्कार दिल्ले.पुरस्काराचे दुसरे आवृत्तींत पद्म विभूषण जयंत विष्णु नार्लीकार हांकां मरणाउपरांत विज्ञान रत्न पुरस्कार दिवन भोवमान केला. नार्लीकार हो नामनेचो भारतीय खगोल भौतिकशास्त्रज्ञ आनी विश्वशास्त्रज्ञ आसून ताणें गुरुत्वाकर्शण आनी द्रव्य निर्मिती हांचो एकवट करपाखातीर होयल नार्लीकार सिध्दांत तयार केलो आनी १९६० च्या दशकांत स्थिर अवस्थेच्या विश्वाची चौकटी मेळ्ळी.

## INDIA

आंतरराष्ट्रीय नागरी विमानन संघटना- आयसीएओ काउन्सिलांत भारताक परतून वेंचून आयला अशें नागरी विमान मंत्री राममोहन नायडू हांणी आयज सांगलें. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मंत्रीमंडळान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला भारतीय विमान येरादारीक म्हत्वाची संवसारीक मान्यताय मेळ्ळ्या अशें सांगलां.

## PM

आदले प्रधानमंत्री भारत रत्न चौधरी चरण सिंग हांच्या वाडदिसाच्या दिसा प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज तांकां श्रद्धांजली दिली. चौधरी चरण सिंगान समाजांतल्या वंचित वर्गांच्या कल्याणा खातीर तशेंच शेतवडीचे प्रगती खातीर आनी शेतकारांच्या समृध्दी खातीर आपलें जिवीत ओंपलें अशें श्री मोदी हांणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत सांगलें. प्रधानमंत्र्यान म्हणलें, कृतज्ञ राष्ट्र राष्ट्र निर्मितींत ताणें दिल्लें योगदान केन्नाच विसरूंक शकना.

## FARMERS DAY

आयज देशभरांत राष्ट्रीय शेतकार दीस मनयतात. राष्ट्राची वाड आनी उदरगती खातीर शेतकारांच्या योगदानाचो हो दीस मान दितात.ग्रामीण प्रस्नांची खोलायेन समजूत आनी शेतकारांच्या कल्याणा खातीर अखंड पुरस्कार करपा खातीर नामना मेळिल्ल्या आदले प्रधानमंत्री चौधरी चरण सिंगाची जल्मदीस हो दीस. देशांतल्या शेतकारांच्या अखंड समर्पणाक मान दिवपा खातीर आनी राष्ट्राची प्रगती घडोवपाक तांची म्हत्वाची भुमिका वळखून घेवपा खातीर हो दीस मनयतात.संघाचो कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी चौधरी चरण सिंगाच्या वाडदिसाच्या वर्धापन दिसा तांकां श्रद्धांजली दिली.

PRES

अर्थीक गुंतवणूक आनी वाड करपाच्या मुखेल चालकां मदीं सुरक्षा ही एक अशें राष्ट्राध्यक्ष द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलां. 'समृद्ध भारत' बांदपा खातीर 'सुरक्षीत भारत' बांदप गरजेचें अशें तिणें सांगलें. आयज नवी दिल्लींत 38वें गुप्तचर ब्युरोचें शतमानी एन्डॉवमेंट व्याख्यान दितना राष्ट्रपती हांणी सांगलें, भारताक बहुआयामी सुरक्षा आव्हानां आनी धोक्यांक तोंड दिवचें पडलां. शिमेवयल्या वाठारांनी तणाव, आतंकवाद आनी उग्रवाद, बंड आनी कोमुनिदादीक कट्टरपंथीपण हे सुरक्षा चिंतेचे पारंपारीक वाठार आशिल्ले अशें तिणें सांगलें.फाटल्या वर्सांनी सायबर गुन्यांव सुरक्षा खातीर व्हड प्रमाणांत धोको निर्माण जाल्यात अशें राष्ट्राध्यक्ष मुर्मू हांणी सांगलें. देशांतल्या खंयच्याय वाठारांत सुरक्षा नाशिल्ल्यान ताचो अर्थीक परिणाम परिणाम जाल्ल्या वाठारा भायर जाता अशें तिणें रेखांकित केलें.जायत्या उपक्रमांतल्यान समाजांचो विस्वास मेळोवपा खातीर एक समग्र पद्दत आपणायली अशें अध्यक्ष मुर्मू हांणी नदरेक हाडलें.

JAISHANKAR

श्रीलंकेंत दितवा चक्रीवादळाचो परिणाम जाल्ल्या वाठारांचो पुनर्बांदणी करपाक मजत करपा खातीर भारत 45 कोटी डॉलराचे पॅकेज दितलो. परराश्ट्र मंत्री जयशंकर हांणी आयज कोलंबोंत प्रसार माध्यमांक संबोधीत करतना ही म्हायती दिलीताणें सांगलें की ह्या पॅकेजींत 35 कोटी सवलतीची पतपुरवण आनी 10 कोटी डॉलर अनुदान

आसपावीत आसा, जाचो हेतू राष्ट्रांतल्या चक्रीवादळान पिडिल्ल्या प्रदेशांची पुनर्बांदणी करपाक आदार दिवपाचो आसा.भारताच्या मजतींत ह्या चक्रीवादळाक लागून सगळ्यांत चड परिणाम जाल्ल्या क्षेत्रांचो आस्पाव जातलो, तातूंत पुनर्वसन आनी पुनर्वसन सयत रस्तो, रेल्वे आनी पुल जोडणी, घरां बांदपाक आदार दिवप पुरायपणान नश्ट जाल्लें आनी अंशतः लुकसाण जाल्लें. परराश्ट्र मंत्री श्रीलंकेचे अध्यक्ष अनुरा कुमार डिसानायकेक मेळून चक्रीवादळाक लागून जाल्ल्या नुकसानाचेर सविस्तर चर्चा केली आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीचें पत्र दिलें.

G ram

रोजगार निर्मिती खातीर आनी व्यापक ग्रामीण उदरगती खातीर फावो तो निधी मेळचो हे खातीर विक्षित भारत: जी रॅम जी येवजणे खाला एक लाख एकवन हजार कोटी रुपयां परस चड वाटप प्रस्तावीत केला अशें केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलां. आतां कामगारांक शंबर दिसांच्या बदलाक 125 दिसांची नोकरी करपाची कायदेशीर हमी दिल्या अशें मंत्री हांणी व्हिडियो संदेशांत सांगलां.मनरेगाच्या नांवान परतून एक फावट राष्ट्राक चुकीची वाट दाखोवपाचो मुद्दाम यत्न सुरू आसा अशें तांणी सांगलें. ही येवजण मनरेगा कडल्यान एक प्रगतीशील पावल आसा अशें तांणी सांगलें. काम मेळना जाल्यार बेकारी भत्तो दिवपाची तरतूदय आनीक घटमूट केल्या अशें मंत्री हांणी सांगलें.

ISRO

अमेरिकेचो एएसटी स्पेसमोबायल ब्लूबर्ड ब्लॉक-2 संचार उपग्रह फाल्यां थळाव्या वेळा प्रमाण सकाळीं 8:54 वरांचेर इसरो कडल्यान एलव्हीएम3-एम6 रॉकेटाचेर प्रक्षेपण करतले.एलव्हीएम3 चें हें सवे कार्यकारी उड्डाण हें समर्पीत वेपारी मिशन आसून उपग्रहाक लो अर्थ ऑर्बिटांत दवरतले. ब्लूबर्ड ब्लॉक-2 हो एलईओचो सगळ्यांत व्हडलो वेपारी संचारण उपग्रह आनी भारतांतल्यान एलव्हीएम3 कडल्यान प्रक्षेपित केल्लो सगळ्यांत जड पेलोड आसतलो. उपग्रह हो एएसटी स्पेसमोबायलाच्या फुडले पिळगेच्या

प्रणालीचो एक भाग आसा, जो खाशेल्या हार्डवेअर नाशिल्ल्या मानक स्मार्टफोनांक थेट सेलुलर ब्रॉडबँड जोडणी दिता.